CAREERINDIA

# PAPER-III
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________
   (Name) ____________________
2. (Signature) ____________________
   (Name) ____________________

OMR Sheet No. : ..........................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. [ | | | | | | | ]
(In figures as per admission card)

Roll No.______________________________
(In words)

**J 8 5 1 4**

Time : 2 $^{1}/_{2}$ hours] [Maximum Marks : **150**

Number of Pages in this Booklet : **12** Number of Questions in this Booklet : **75**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of seventy five multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means such as change of response by scratching or using white fluid, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry original question booklet and duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. इस पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचहत्तर बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पुस्तिका के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, जैसे कि अंकित किये गये उत्तर को मिटाना या सफेद स्याही से बदलना तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर मूल प्रश्न-पुस्तिका तथा OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई नकारात्मक अंक नहीं हैं ।**

www.careerindia.com

CAREERINDIA

# कोंकणी

## प्रश्नपत्र – III

**सुचोवण्यो :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत **वट्ट पाएण्शे (75)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो.
(iii) दर एका प्रस्नांच्या सारके जापेक **दोन (2)** गूण दवरल्यात.
(iv) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे सकयल दिलल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षराचेर कुरु करुन दिंवची.

**1.** सकयल दिल्ले उतारे आनी तांचे ग्रंथ हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. अनंता स्वामया तुका आठौ नां ! कैश्यापरीं इजायिसास प्रोफेता वरौनु माका लहानु लेगिन वृद्‌प्राय पर्येंत्र, आपुल्या खांक्यांतु घेवनु व्हरतलो आशिलोशि, म्होणु बोल दिला ? | 5. सांत आंतोनीची अचर्या |
| 2. कित्या के भावार्थु, जो आसा तो क्रिस्तांव पणाचें मूळ. तो मनांतु दृडु जरि जायत, तरि हेर सर्व सुफळ जायत; तो मनिं जरिथिरुं नां, तरि हेर सर्व माणुसाचें निर्फळ जातां. | 6. दोत्रिन क्रिस्तां |
| 3. शरण येतांव, तुका राणये, काकुळटिचे माते तूं आमच्या जीवाचें अमृत, तूं आमचो भरवंसो, तुका शरणा येतांव. | 7. देवाची येकांग्र बोलणी |
| 4. .....देखून ह्या गांवाक सुरावली म्हण नांवाडितात, सुर्याचे मयिचो गांवसो उचारितात; क्रिस्तावां नो ही सूर्याची माय कोणशी जाणतलेत ? | 8. मिगेल द आल्मैदाची प्रवचनां |
| | 9. वनवाळ्याचो मळो |

(A) 1–7, 2–5, 3–6, 4–8
(B) 1–6, 2–5, 3–6, 4–8
(C) 1–5, 2–9, 3–7, 4–6
(D) 1–9, 2–8, 3–4, 4–5

**2.** शुद्धलेखनाचे नदरेन खंयचें उतर बरोबर आसा ?
(A) दूस्मानकाय
(B) दुस्मानकाय
(C) दूशमानकाय
(D) दुशमानकाय

**3.** लोकवेदांतल्या लोकचाराचे प्रथेप्रमाण पणसाच्या खोलयेची लांब विडी देंवचाराक दवरतात तिका किदें म्हणटात ?
(A) बीडी
(B) विडो
(C) झुटो
(D) चिरूट

**4.** हांतलें खंयचें हुमाणें न्हय तें सांगात.
(A) इल्लोसो पोर घर राखूंक थोर.
(B) भट बुडटा शेंडी उफेता.
(C) पयली देव मागीर जेव.
(D) इल्लीशि चिचूबाय, भाजूभाजून तोंडाक लाय.

**5.** 'कवी यश आनी कीर्त मेळोवपाक आशेता, तेखातीर तो वाचपी आनी श्रोत्यांची वासना उत्तेजित करून लोकांमोगाळ जाता.' हें वाक्य हांतल्या कोणाचें ?
(A) प्लेटो
(B) दान्ते
(C) लोंजाइनस
(D) वर्डस्वर्थ

www.careerindia.com

6. अलंकार-संप्रदायाचे म्हालगडे हांतले कोण ?
(A) हेमचंद्र आनी वामन.
(B) कुंतक आनी उद्भट.
(C) आनंदवर्धन आनी जगन्नाथ.
(D) क्षेमेंद्र आनी मम्मट.

7. गोस्वामी तुलसीदासांच्या 'श्रीरामचरित मानस' ही काव्यरचना कोंकणीत अणकारून कोणे हाडल्या ?
(A) नागेश सौंदे
(B) पुरूशोत्तम मल्ल्या
(C) के. अनंत भट
(D) वसंत मणि

8. ग्वादालूप डायस हांच्या कविता झेल्याचे नांव हांतलें खंयचें ?
(A) काळजाची उतरां
(B) काळी काळखाची माती
(C) जोत
(D) भूंय फोड

9. हांतुतल्या खंयचे साहित्य कृतीक केंद्रीय साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जावंक ना ?
(A) सोंशाचे कान
(B) पाषाण कळी
(C) भितरलें तुफान
(D) सावुलगोरी

10. आशा मणगूतकार आनी प्रियदर्शिनी तडफोडकार हांणी जोडपालवान बरयलनें हांतलें खंयचें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादमीन उजवाडायला ?
(A) कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय.
(B) मराठी भाशकांखातीर कोंकणी परिचय.
(C) पुंडलिक ना. नायक साहित्यसूची
(D) कोंकणी परिसर अभ्यास.

11. जैन साहित्यांत सगळ्यांत चड बरप ________ या साहित्य प्रकारांत जाला.
(A) पुराण
(B) न्यायशास्त्र
(C) चरित्र
(D) कथा

12. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें २८वें अधिवेशन खंय आनी केन्ना जालें ?
(A) मुंबय – १७ ते १९ फेब्रुआरी २०१२
(B) केरळ – १७ ते १९ मार्च २०१२
(C) मंगळूर – १४ ते १७ डिसेंबर २०११
(D) उडुपी – १७ ते २० जानेवारी २०१२

13. हांतूतलें खंयचें पुस्तक प्रकाश वझरीकार हांचे नाटक म्हुण उजवाडायलां ?
(A) गिरमीट
(B) वज्राघात
(C) क्ष समिक्षेंतलो
(D) एक बुटो फुललो

14. निबंद संग्रह आनी बरोवपी हांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. वेंचिल्ले खीण | 5. विष्णु नायक |
| 2. ऋतुचक्र | 6. कमलाकार म्हाळशी |
| 3. मान्नी पुनव | 7. माधवी सरदेसाय |
| 4. मंथन | 8. दिनेश मणेरकार |
| | 9. दत्ताराम सुखठणकार |

(A) 1–7, 2–8, 3–9, 4–6
(B) 1–8, 2–6, 3–9, 4–7
(C) 1–6, 2–8, 3–9, 4–7
(D) 1–7, 2–9, 3–8, 4–6

15. हांतुतली खंयचीं कथा 'अंतरआयामी' ह्या कथाझेल्यांत आसपावता ?
(A) खाटीक
(B) सत्री
(C) मर्णाचें सांवट
(D) यमा मात्सो राव

CAREERINDIA

**16.** वाक्प्रचार आनी ताचो बरोबर अर्थ हाची फाव ती जोडी खंयची ?

चड मेस्त बुर्रा फेस्त

(A) फेस्ताक खूप मेस्त.

(B) चड जाणां मेस्त आसल्यार काम कशायकशें जावप.

(C) चड मेस्त चड बुरशेपण.

(D) ज्या फेस्ताक मेस्तच वतात असलें फेस्त.

**17.** कोंकणी उतरां आनी तांचे मूळ हांच्यो फाव त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | पगार आनी परात | 5. | फारसी |
| 2. | मजा आनी मस्ती | 6. | कन्नड |
| 3. | मर्जी आनी मसालो | 7. | पुर्तुगेज |
| 4. | किटली आनी जाकीट | 8. | अरबी |
| | | 9. | इंग्लेज |

(A) 1–7, 2–5, 3–8, 4–9

(B) 1–8, 2–5, 3–7, 4–9

(C) 1–6, 2–8, 3–5, 4–9

(D) 1–8, 2–6, 3–5, 4–7

**18.** प्लेटो कवितेतलें सत्हेंवास्तविक सत् मानीना कित्याक तर

(A) कविता बिम्ब आनी चित्र प्रस्तुत करता अशें तो मानता.

(B) कवी यश आनी कीर्त मेळपाक कविता रचता.

(C) कविता अज्ञानांतल्यान उत्पन्न जाता.

(D) कविता सुंदरताये परस शिवत्वाचेर चड भर दिता.

**19.** आलंकारिक आनी तांच्या ग्रंथाच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | दण्डी | 5. | काव्य प्रकाश |
| 2. | मम्मट | 6. | साहित्य दर्पण |
| 3. | विश्वनाथ | 7. | रसगंगाधर |
| 4. | जगन्नाथ | 8. | औचित्य विचार चर्चा |
| | | 9. | काव्यादर्श |

(A) 1–9, 2–6, 3–8, 4–9

(B) 1–9, 2–5, 3–6, 4–7

(C) 1–6, 2–5, 3–7, 4–8

(D) 1–9, 2–8, 3–6, 4–7

**20.** पश्चिमी काव्यशास्त्रांत मनोविज्ञानिक संज्ञांचो उपेग करपी तशेंच प्रतिमा, रम्यकल्पना, काव्य सर्जन प्रक्रिया हांचे स्पश्टीकरण करपी सगळ्यांत पयली व्यक्ती हांतलो कोण ?

(A) रिचर्डस

(B) होमर

(C) कौलरिज

(D) लोंजाइनस

**21.** लोकवेद प्रकार वळखून तांच्यो फाव त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | माडावेलो कीर बाये<br>शेंपडी हालयता<br>सवाशीणी बायलेक<br>दोळे मोडिता. | 5. | होवयो |
| 2. | कुर कुर कुर कानां<br>म्हशी गेल्यो रानां<br>मामा वचून हाडरे परत<br>गायो म्हशींक | 6. | आल्ल यो |
| 3. | गंदा धुपाचो सिनीं<br>पाकळेचो उपया वाडयेचो,<br>काकुळे पिंडाचो मानी | 7. | धालो |
| 4. | दातें मांडून दात्या केले तिबे<br>पांचय देव डबे<br>आमच्या कार्या लागीं | 8. | गाराणें |
| | | 9. | फुगडी |

(A) 1–8, 2–6, 3–7, 4–9

(B) 1–5, 2–6, 3–7, 4–8

(C) 1–6, 2–5, 3–7, 4–8

(D) 1–7, 2–6, 3–8, 4–5

**22.** नाटक आनी तांतलीं पात्रां हांची बरोबर जोडी खंयची ?

(A) चवथीचो चंद्र आनी विठोबा, रूक्मिण.

(B) गजालींचें नाटक आनी विठोबा आनी रूक्मिण.

(C) निमित्ताक कारण आनी म्हाळूबाब आनी मावशीबाय.

(D) चवथीचो चंद्र आनो किश्लोद आनी शरद.

www.careerindia.com

CAREERINDIA

**23.** संजीव वेरेंकार हांची साहित्यकृती खंयची ?
(A) एक धेंट पान
(B) गांवांतली सांज
(C) गावांकडल्यो कविता
(D) रक्तघाय

**24.** 'दीस गेला खाला' ही कविता हांतल्या खंयच्या झेल्यांत आसपावता ?
(A) अमुरपिक्या जिणेंत
(B) सासाय
(C) सगळो बाजार
(D) हांव मनीस अश्वत्थामो

**25.** 'आमच्या बापा तूं सगरि आसा' ही प्रार्थना खंयच्या पुस्तकांत पयलीं उजवाडयल्या ?
(A) क्रिस्तावांची दोतोर्न
(B) दौत्रीन क्रिस्तां
(C) आमचो सोडवणदार
(D) सोलिलिक्युस दिवीनुस

**26.** 'साहित्य-स्वाध्याय' आनी 'साहित्य-सुवाद' ह्या बरपांचे कर्ते हांतले खंयचे ?
(A) चन्द्रकान्त केणी, उदय भेंब्रे
(B) चन्द्रकान्त केणी, हरिश्चंद्र नागवेंकार
(C) मनोहरराय सरदेसाय, सुरेश आमोणकार
(D) चन्द्रकान्त केणी, मनोहरराय सरदेसाय

**27.** ज्योकीं आंतोन फॅनींदोशाचो किद्याचेर सगळ्यांत चड प्रभाव दिश्टी पडटा ?
(A) आयच्या तियात्रिश्तांच्या तियात्र सादरीकरण करपाचे रीतीचेर
(B) आयजचे रोमीं लिपयेंतल्यान कोंकणी बरोवपाचे रीतीचेर
(C) इग्रजेन मीस सांगपाचे पद्धतीचेर
(D) कोंकणी कवितेच्या सादरीकरणाचेर

**28.** 'भांगराचें सुकणें' हें अणकारित पुस्तक मूळ खंयच्या भाशेंतल्यान घेतलां ?
(A) मणिपुरी
(B) डोगरी
(C) मैथिली
(D) बंगाली

**29.** 'दिगंबर' ह्या पात्राभोंवतणी जाचें कथानक रचलां ती कोंकणीतली नवलिका हांतली खंयची ?
(A) शक्तिपात
(B) दिगंबर
(C) उबंतर
(D) विखार-विळखो

**30.** 'खुटये भाटांतले शिंयाळें' ह्या एकांकीचो स्वणार हांतलो कोण ?
(A) पुंडलीक दाण्डे
(B) आचार्य रामचंद्र नायक
(C) बाळकृष्ण सावर्डेकार
(D) वसन्त कारे

**31.** रामचंद्र शंकर नायक हांकां शणै गोंयबाबान 'आचार्य' ही पदवी दिली
(A) तेदेवेळार रामचंद्र नायक गोंयच्या समेस्त भुरग्यांक कोंकणी शिकयतालेत.
(B) गोंयांत रामचंद्र बाबांसारको दुसरो गुणेस्त मनीस दिश्टी पडनासलो.
(C) तांणी कोंकणीच्यो भगल्यो मारपाक एकांकीचो बेस बरो बापर केल्लो.
(D) तांकां कोंकणीची तांक कळून आयिल्ली आनी जायत्यो एकांकी कोंकणीतल्यान रचून भाशेची सेवाच केल्ली !

**32.** सकयल दिल्लीं पुस्तकां तांचे प्रकाशन आनी बरोवपी हांची योग्य ती जोडी खंयची ?
(A) गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार – गोवा कोंकणी अकादमी – शाम वेरेंकार
(B) लोकरंग – गोवा कोंकणी अकादमी – जयंती नायक
(C) तर्ने तर्ने मोर्ने – कोंकणी सरस्वत प्रकाशन – चा. फ्रा. द. कोश्ता
(D) कोंकणी मानस गंगोत्री – राजहंस वितरण – ऑलिविन्यु गॉमिश

CAREERINDIA

**33.** सकयल दिल्या उतरांतलें खंयचें उतर भोवअर्थी आसा ?
(A) हात
(B) लाख
(C) खरें
(D) गाय

**34.** सकयल दिलल्या स्थापणुकींतल्यान आनी तर्काच्या आदारान फावो ती जाप वेंचून बरयात.
नवलिका रचतना लेखक जतनायेन प्रमाणशीर अशें नियोजन करता कित्याक –
(A) ताणें आपणाल्या कथानकांत येवंक गरजेच्या कळाशींची कितली जाणविकाय आसा हें होलमता.
(B) तशें केल्ल्यान ताका नवलिकेंत पात्राची मांडावळ करप सोपें जाता.
(C) ताची नवलिका तांतुतले अंतर्गत घटक एकजीव करुंक पावता.
(D) ताका लागून वाचप्यांक नवलिकेतलीं पात्रां, घडणुको हांचे संदर्भ बरे तरेन स्पश्ट जावंक पावता.

**35.** मनोराय नायक हांगेलो 'कल्पफूल' हो काव्य झेलो खंयच्या वर्सा उजवाडून आयलो ?
(A) 1968
(B) 1998
(C) 1993
(D) 1973

**36.** नाम, सर्वनाम, विशेशण, क्रिया विशेशण आनी अव्यय हांका प्रत्यय लागून जाल्ल्या उतरांक ________ म्हणटात.
(A) धातू
(B) कृदन्त
(C) तद्धीत
(D) धातुसाधित

**37.** हांतलें खंयचें उतर रासनाम आसा ते वळखात.
(A) भुरगें
(B) पेंड
(C) कोंबे
(D) पयसो

**38.** 'तिकली' हें सदर 'सुना परान्ता' खातीर बरोवपाक पयली सुरवात कोणे केली ?
(A) संदेश प्रभुदेसाय
(B) राजय पवार
(C) दत्ता दामोदर नायक
(D) मनोहरराय सरदेसाय

**39.** उजवाडणेच्या वर्साप्रमाण ह्या कृतींचो फावो तो क्रम खंयचो ?
(A) यमन, एक कृष्णकळी, प्रस्न, एव आनी मरी.
(B) एक कृष्णकळी, प्रस्न, यमन, एव आनी मरी.
(C) एव आनी मरी, प्रस्न, यमन, एक कृष्णकळी
(D) प्रस्न, एव आनी मरी, यमन, एक कृष्णकळी

**40.** थळ पुराणां खंयच्या देवळांनी आसात अशें म्हणटात ?
(A) केरळ
(B) मंगळूर
(C) रामेश्वर
(D) उडुपी

**41.** 'कासवाचें कट्टें' ह्या निबंदाचो लेखक हांतलो कोण ?
(A) मुकेश थळी
(B) बाकीबाब बोरकार
(C) प्रकाश थळी
(D) कमलाकर म्हाळशी

**42.** वेनेसा आनी रीगन हांणी कुसवो भाडयान घेवपाचें थारायलें, कित्याक

(A) रीगन दुसरे अस्तुरेच्या मोगान घुसपून गेल्लो.

(B) तांकां सालोमें अपंगुळ जाल्ल्याचो खंत भोगताली.

(C) वेनेसाक पर्थून दुसरें भुरगें जावपाची शक्यताय नाशिल्ली.

(D) कश्ट त्रास जायनासतनां आयतें आवयपण मेळटा तें वेनेसाक जायच आशिल्लें.

**43.** 'सांक्तु आंतोनीचीं अचर्यां' ह्या १७व्या शतमानांतल्या ग्रंथाचे 20 व्या शेंकड्यांत पयलें वयलें संपादन हांतल्या कोणे केलां ?

(A) शणै गोंयबाब

(B) अ.का. प्रियोळकार

(C) पांडुरंग पिसुर्लेकार

(D) रौकी मिरांडा

**44.** 'चैत्रांगण' आनी 'गांवमन' हे कथांचे झेले हांतल्या कोणे बरयल्यात ?

(A) सुरेखा तोटेकार आनी अपर्णा गारूडी.

(B) अच्युत तोटेकार आनी अपर्णा गारूडी.

(C) अच्युत तोटेकार आनी नरेश नायक.

(D) सुरेखा तोटेकार आनी नरेश नायक.

**45.** 'पैणारी' ह्या नेमाळ्याखातीर 'नवरो' ही सांखळकथा कोणे बरयल्या ?

(A) चा. फ्रा. द. कोश्त

(B) वी. जे. पी. सालढाण

(C) नंदिनी

(D) फ्रेडी डिकोस्ता

**46.** 'एक श्वेंट – एक पान' हें पुस्तक खंयच्या साहित्य प्रकारांत आसपावता ?

(A) कथा

(B) कविता

(C) नवलिका

(D) नाटक

**47.** सुरेश बोरकार हांच्या 'कोंकणी व्याकरणां'चे दुसरे आवृत्तीची प्रस्तावना खंयची तें वळखात.

(A) होरावणी

(B) अंत्रुजी जीविताचो वर्णनकार

(C) दोन उतरां

(D) हें निश्ठेचें बळ, हें कश्टांचे फळ.

**48.** र. वि. पंडित हांची खंयची रचना देवनागरी आनी कानडी लिपयेंत उजवाडून आयल्या ?

(A) चारां

(B) चंद्रावळ

(C) दर्या गाजोता

(D) धर्तरेचें रूप

**49.** वि. जे. पी. सालढाण आनी रवींद्र केळेकार हांची लेखन नावां हांतली खंयचीं ?

(A) खडाप आनी इंद्रकर.

(B) रोहिताश्व आनी सौमित्र.

(C) आचार्य आनी दोमळो.

(D) गोम पै आनी झोटिंग.

**50.** सकयलो विधानां वाचून योग्य पर्याय खंयचो तो वेंचून काडात.

(अ) 'जीण जाली अस्तुरी' हो अरूण साखरदांडे हांचो नवो कविता झेलो.

(ब) 'कथा अस्तुरी' म्हणजे अस्तुरेच्या जीणेचो पुराय आंगान केल्लो नाट्यमय आविश्कार.

(क) 'अस्तुरी-मृग' हें पुस्तक बायलांच्यो व्यथा मांडपी एकांकीचो झेलो.

(ड) 'कथा-करंड' हे कोंकणी अस्तुरींनी बरयल्या कथांचें संकलन.

(A) ब आनी ड हीं विधानां बरोबर आसात.

(B) ब आनी क हीं विधानां बरोबर आसात.

(C) अ आनी ब ही विधानां बरोबर आसात.

(D) हांतलें एकय विधान बरोबर ना.

CAREERINDIA

**51.** केरळांतल्या खंयच्या लोकगीतांचें संपादन पी. जी. कामत हांणी केलां ?

(A) गोड्डे रामायण

(B) श्रवोण

(C) श्रीकृष्ण कथासुधा

(D) वेंकटेश कल्याण

**52.** 'तांक' ह्या कथाझेल्यांत हांतुतली खंयची कथा आसपावना ?

(A) तळमळ

(B) अप्रूप

(C) निर्णय

(D) सत्री

**53.** सकयल दिलल्या शब्दकोशांचो योग्य क्रम खंयचो ?

(A) लोरेंस अल्वारिश – एक भाशिक शब्दकोश, सेबेश्तियांव दाल्गाद – कोंकणी-पोर्तुगीज शब्दकोश, श्रीपाद देसाय – कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश, दामोदर घाणेकार – कोंकणी अभ्यासकोश, पाद्री रिबैस – कानारी पोर्तुगेज शब्दकोश.

(B) पाद्री रिबैस – कानारी पोर्तुगेज शब्दकोश, लोरेंस अल्वारिश – एक भाशिक शब्दकोश, सेबेश्तियांव दाल्गाद – कोंकणी -पोर्तुगेज शब्दकोश, श्रीपाद देसाय – कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश, दामोदर घाणेकर – कोंकणी अभ्यासकोश.

(C) सेबेश्तियांव दाल्गाद – कोंकणी-पोर्तुगीज शब्दकोश, लॉरेंस अल्वारिश – एक भाशिक शब्दकोश, पाद्री रिबैस, कानारी – पोर्तुगेज शब्दकोश, दामोदर घाणेकार – कोंकणी अभ्यासकोश, श्रीपाद देसाय – कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश

(D) सेबेश्तियांव दाल्गाद – कोंकणी-पोर्तुगीज शब्दकोश, पाद्री रिबैस – कानारी-पोर्तुगीज शब्दकोश, लॉरेंस अल्वारिश - एक भाशिक शब्दकोश, श्रीपाद देसाय – कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश, दामोदर घाणेकार – कोंकणी अभ्यासकोश

**54.** 'तुफान' ही साहित्यकृती हांतल्या कोणे रचली ?

(A) एम्. मॅजिकवाला

(B) से. मा. बोर्जिस

(C) फेलिस्यु कार्दोज

(D) विली गॉएश

**55.** 'कोंकणीची उतरावळ, तिजी जोडणूक आनी घडणूक' हें बाकी बाबांचें पुस्तक कसलें ?

(A) कोंकणी व्याकरणाचो आनी भाशेचो इतिहास सांगपी.

(B) शणै गोंयबाबांच्या उगडासाक ओंपलेली कोंकणी भाशा मंडळाची वालावलीकार व्याख्यान माळ.

(C) कोंकणी परिशदेच्या पयल्या अधिवेशनातलें अध्यक्षीय उलोवप.

(D) कोंकणी साहित्य सम्मेलनांत केल्ली भाशणां आनी तांचें संकलन.

**56.** 'भारतीय भासांचे साहित्य घडोवपी' हे माळेतले हांतलें खंयचें पुस्तक आसा ?

(A) काजी नजरूल इस्लाम

(B) अंधा युग-धर्मवीर भारती

(C) बापू

(D) कोंकणी साहित्याचो इतिहास

**57.** 'स्पंदन' हें नेमाळें खंयच्या वाठारांतल्यान उजवाडून येता ?

(A) बेळगांव

(B) मंगळुरु

(C) कोच्ची

(D) कालिकत

CAREERINDIA

**58.** वस्तूंची पत ल्हान करपी उतरांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | शेवट्याचो | अ. | तोरो |
| 2. | तवश्याचें | ब. | किलांगो |
| 3. | सुंगटाची | क. | चीप |
| 4. | दुदयाचो | ड. | पिपर |
| | | ण. | किरप |

(A) 1 – ब, 2 – ड, 3 – ण, 4 – अ
(B) 1 – ड, 2 – ण, 3 – क, 4 – ब
(C) 1 – क, 2 – ण, 3 – ब, 4 – ड
(D) 1 – ब, 2 – अ, 3 – ड, 4 – ण

**59.** त्रिश्तांव कुन्हा हांणी एक सातोळें चलयलें ताचें नांव
(A) आझाद गोमंतक
(B) आझाद गोंय
(C) आझाद
(D) जयहिंद

**60.** हांतलें खंयचें पुस्तक नागेश सौंदे हांणी बरोवंक ना ?
(A) श्री विष्णु आणि भागवत धर्माचो विकास.
(B) कोंकणी भाशेचो इतिहास.
(C) सत्यव्रतु कर्ण
(D) उपनिषदांचें अवलोकन

**61.** 'देमान्द' नाटकांत बदल करपाच्यो जायत्यो सुचवण्यो प्रेक्षकांनी करूनय लेखकान तांतूत बदल करुंक ना
(A) लेखकाक दिसलें प्रेक्षकांच्या सुचोवण्यांत व्हडलेशें तथ्य ना !
(B) ताका दिसलें धाय प्रयोगाडप्रांत रसिकांनी तें नाटक आसा तरों स्वीकारलां. आता बदल कित्याक ?
(C) लेखकाक दिसलें नाटकाक सर्तीनी इनाम मेळटकच आपणें तांतूत बदल करचो.
(D) ताका दिसलें नाटकाचें पुस्तक छापूंक वतलें तेन्ना तांतूत आपशीच बदल घडटले. आताच कित्याक बदलूंया ?

**62.** सकयली वाक्यां कोण कोणाक म्हणटा तें वळखून तांच्यो फाव त्यो जोडयो वेंचून काडात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | तुवूंय चार चौगाल्या बापायवरी कित्याक वागना ! | 5. | जयवंत-जनाप्पाक |
| 2. | ताई पोरसूं तुवें वाडयलें पुण पोरसांतल्यान भोंवरो आयलो तो मात म्हजेखातीर आयलो. | 6. | जयवंत-डॅल्हासाक |
| 3. | तोंडाक रंग फासून खंयच्याय नाटकांत उलयती भास | 7. | सुप्रिया-सीमाक |
| 4. | घरचीं मनशां दुबळी थल्ल्यार शेजाऱ्यांक उपकाराचो आव हाडूंक कितें जालां ? | 8. | अशोक-जयवंताक |
| | | 9. | सुप्रिया-अशोकाक |

(A) 1–8, 2–7, 3–6, 4–5
(B) 1–7, 2–8, 3–6, 4–5
(C) 1–6, 2–8, 3–9, 4–5
(D) 1–8, 2–5, 3–9, 4–6

**63.** "देवा धर्ल्यां दोळ्यां दृष्टि । गुरुभक्ति ज्ञाना पुष्टि ।।
संतांल्या उल्लैता गोष्टि । धांवडाय कलि नष्टि ।।"
ह्यो वळी हांतल्या कोणाल्यो ?
(A) संत सहजानन्द
(B) स्वामी सुप्रिय
(C) भवानिबाय पडुकोण
(D) संत आवडाबाय

**64.** 'तिरुकुरल' ह्या तमिळ पुस्तकाचो कोंकणीत काव्यरूपान अणकार कोणे केला ?
(A) ए. एन्. आनन्दन
(B) एन्. पुरुषोत्तम मल्ल्या
(C) बी.वी. बाळिगा
(D) महाबळेश्वर सरदेसाय

**65.** जयंती नायक हांच्या पुस्तकांचो प्रकाशन वर्साचो बरोबर अनुक्रम हांतलो खंयचो ?

(A) आमोणें एक लोक जीण, लोकरंग, लोकबिम्ब, पेडणेचो दसरो.

(B) पेडणेचो दसरो, आमोणें एक लोक जीण, लोकरंग, लोकबिम्ब

(C) आमोणें एक लोक जीण, पेडणेचो दसरो, लोकबिम्ब, लोकरंग

(D) लोकबिम्ब, आमोणें एक लोक जीण, पेडणेचो दसरो, लोकरंग

**66.** बरोरपी आनी साहित्यप्रकार हांची बरोबर जोडी खंयची ?

(A) पाजण – महाबळेश्वर सैल – नवलिका

(B) कोंकणी समीक्षात्मक निबंद – सु. म. तडकोड – समीक्षा-निबंद

(C) सुलुस – जेस फॅर्नांडीस – कविता

(D) काजुले – आर. भास्कर – कथा

**67.** वाक्य पुराय करात.

कोंकणीच्या भाशिक नियोजनांतली व्हडली आडमेळ म्हळ्यार ________

(A) कोंकणीचें जाय तितलें प्रमाणिकरण जावंक ना.

(B) कोंकणी जायत्या वाठारांनी शिंपडून गेल्ल्या लोकांची भास जाल्या.

(C) कोंकणींत फाव तितलीं नेमाळीं नात.

(D) कोंकणीत सिद्धान्तिक ग्रंथांचें बरप व्हड प्रमाणांत जावंक ना.

**68.** 'ते चलयेचे मुख चंद्रावरी दिसता' ह्या वाक्यांत खंयचो अलंकार आसा ?

(A) उपमा

(B) यमक

(C) संदेह

(D) स्मरण

**69.** आंजेलुस माकैचो शब्दकोश कोंकणीचे खंयचे मोडींत आसा ?

(A) कोडयाळी मोड

(B) मंगळूरी मोड

(C) बारदेशी मोड

(D) अंत्रुजी मोड

**70.** कोंकणीचे उगमासंबंदी उग्तायलेल्या मत्तांचो आनी विचार-वंताची बरोबर जोडी हांतलो खंयचो ?

(A) कोंकणीचो उगम महाराष्ट्री प्राकृतांतल्यान जाला – जु जे परैर

(B) कोंकणीचो उगम शौरसेनी अपभ्रंशातल्यान जाला – सु. बा. कुलकर्णी

(C) तिचो उगम जायत्यो बोलयो एकठांय जावन जाला – फा. ए. एफ्. एक्स. माफैय

(D) कोंकणीचो उगम महाराष्ट्री प्राकृतांतल्यान जाला – नागेश सौंदे

हो उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो दियात :

आर्य ह्या देशांत पातळटाले त्या वेळार हांगा वेगवेगळ्या संस्कारांत वाडिल्ले चार कुळयांचे लोक रावताले.

हांतल्या नेग्रिटो कडेन आर्यांचो संबंद आयलासो दिसना. घडये आर्य येवचे पयलींच ते दुसऱ्या समाजांत भरसून ना जाल्ले आसूं येतात. मुदयाळया केंसांच्या आदिवासी लोकांचो हे कुळये कडेन संबंद जोडटात.

वेदांचे मुस्तींत आर्यांचो मॉंगोलॉयडां कडेनूय संबंद आयिल्लो दिसना. ब्रह्मावर्तांत आर्यांनी आपणाली वसणूक केल्या ते मेरेन आर्यांक ते मेळूंक नात. कित्याक, हे कुळयेंतले लोक गंडकी पेल्यान उदेंत भारतांत रावताले. पूणून आर्य तांकां वळखताले जावंक जाय. तांकां ते किरात मृणटाले आनी किरातांक ते प्रियदर्शिनः म्हळ्यार, देखणे लेखताले.

आर्यांक पातळपाक आडखळ जाली ती ऑस्ट्रिक कुळयेंतल्या लोकां कडल्यान आनी द्रविडां कडल्यान. आर्यांचे भाशेंत, निषांदा कडल्यान आनी दस्यूं कडल्यान.

निषाद मेडिटेरेनियन लोक इतिहासा आदल्या काळार ते कितल्याश्याच फांट्यांनी हांगा पाविल्ले. हांगासल्लानूच ते पातळत पातळत उदेंत आशिया खंडात ऑस्ट्रेलिया मेरेन पावल्यात. कातीन काळे आनी आंगान मोटवे लोक हे. संस्कृतायेचे नदरेन व्हडले-शे गिरेस्त न्हय. वयल्या पांवड्याचे तर निखालूस न्हय. पुणून ह्या लोकांनी ह्या देशाक खूब दिलां. भात रोवंक तांणीच शिकयलां. नाल्ल, केळें, हलद, आले, वांयगें तेच घेवन आयल्यात हांगां. पान-सुपारी खावन ओंठ रंगोवपाची चालूय मुदलांतली तांची. वेदीक भाशेंत नाल्ल, केळें, हळद, आळें, वांयगें, पान-सुपारी हांकां उतरांच नाशिल्लीं. संस्कृत भाशेंत हांचे खातीर नारिकेल, कदल, हरिद्र, शृंगवेर, वाटिंगण, ताम्बुल, गुवाक बीं उतरां आसात ती मुदानांतली तांचे भाशेंतलीं, घांसून, पुसून, निवळ करून घेतिल्लीं. गंगेक गंगा हें नांव तांणीच दिलां, गंगा ह्या उतराचों मुदल अर्थ न्हंय असोच जातालो. हे ऑस्ट्रिक कुळयेंतलें उतर. थाय आनी चिनी भाशेंत लेगीत तें गेलां. देखीक, मेखोंग, सिकियांग, कियांगाचो खरो उच्चार गांग, आनी गांग म्हळयार न्हंय. ऑस्ट्रिक (निषाद) लोक गायो पोशी नाशिल्लो. देखून दूद पियेनाशिल्लो. पुणून तांतयां खातालो. कोंबयो पोसपी संवसारांतलो पयलो लोक हो.

ऋग्वेदा बयल्यानूच निबळ दिसता - दस्यू शारांनी रावतोल. हाचो अर्थ, संस्कृताये नरदेन ते वयल्या पांवड्याचे आशिल्ले असो करूंक जाय. कित्याक, शारां अवचीत वयर सरनात. सभ्यतायेचे कितेशेच पांवडे चडले उपरांत मनीस शारांची संस्कृताय उबी करूंक पावता. दस्यूंचीं हांगा शारां आशिल्लीं हाचे वयल्यान ते हांगा देड़ दोन हजार वरसां आदीं सावन रावताले अशें म्हणचें पडटा. तांची शारां आशिल्लीं दाचों अर्थ, शारां भायर गांव आशिल्ले आनी गांवांनी गरजे परस चड अन्न पिकतालें अशें म्हणचें पडटा.

**71.** आर्य लोक खंयच्या लोकांक 'प्रियदर्शिनः' अशे लेखताले ?

(A) निषाद

(B) दस्यू

(C) किरात

(D) द्रविड

**72.** उतान्याक फावो तो माथाळो हांतलो-खंयचो ?

(A) भारतीय वसणूक

(B) वैदीक वसणूक

(C) वैदीक काळातले आर्य

(D) वैदीक काळातले निषाद

**73.** सकयल दिल्ली खंयची दोन विधानां बरोबर आसात ?

(अ) आर्यांक निषाद आनी दस्यू कडल्यान आडखळ जाली.

(ब) आर्यांक नेग्रिटो आनी ऑस्ट्रिक लोकांकडल्यान आडखळ जाली.

(क) आर्यांक ऑस्ट्रिक आनी द्रविड लोकांकडल्यान आडखळ जाली.

(ड) आर्यांक निषाद आनी मॉंगोलॉयड लोकांकडल्यान आडखळ जाली.

(A) अ आनी ब

(B) ब आनी क

(C) अ आनी क

(D) अ आनी ड

**74.** संस्कृतायेचे नदरेन दस्यू वयल्या पांवडयाचे अशिल्ले अशें म्हणूंक येता कारण

(A) दस्यू म्हळयार निषाद लोक

(B) दस्यू शारांनी रावताले

(C) दस्यू गांवानी रावताले

(D) आर्यांचो दस्यूंकडेन संबंद आयिल्लो

**75.** सकयल दिल्लें खंयचें वाक्य चूक आसा ?

(A) मॉंगोलॉयड म्हळयार किरात लोक.

(B) निषाद म्हळयार दस्यू लोक.

(C) ऑस्ट्रिक म्हळयार निषाद लोक

(D) दस्यू म्हळयार द्रविड लोक

**Space For Rough Work**

www.careerindia.com